**Aakashwani Panaji Regional news 2 March 2025 7.25 am**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी काल सांजवेळा गुजरातांत तीन दिसांच्या भोंवडेर जामनगरांत पावले. फुडल्या दोन दिसांत प्र्धन्मंत्रि जायत्या कार्यावळींनी वांटो घेतले. आयज प्रधानमंत्री मोदी जनावर सोडवणूक आनी पुनर्वसन केंद्र वंतारा हांगा भेट दितले, उपरांत सासान गिर राष्ट्रीय उद्यानाक भेट दितले.तशेंच नॅशनल बोर्ड फॉर वाइल्डलायफ हे बसकेचे पदाधिकारी अध्यक्ष म्हणून अध्यक्षपद स्म्भल्तले . 47 वांगडी आसात, तातूंत लश्करी मुखेल, वेगवेगळ्या राज्यांतले वांगडी, ह्या मळार काम करपी एनजीओचे प्रतिनिधी, मुखेल वन्यजीव वार्डन आनी वेगवेगळ्या राज्यांतले सचीव आसात.प्रधन्मंत्रि सोमनाथ देवळांत प्रर्थना करतले आनी उपरांत देवळाचें वेवस्थापन करपी श्री सोमनाथ ट्रस्टाचे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले.

---

नामनेचे कोंकणी लेखक विन्सी क्वाद्रूश हांणी लहान भुरग्यांखातीर बरयिल्ल्या दोन पुस्तकांचे आयतार 2 मार्चक रायचो आंबो, राय हांगा उजवाडावपी कार्यावळ जातली . ह्या सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हूण मडगावचे आमदार दिगंबर कामत आसतले. ‘आवय’ आनी ‘मैदान’. दोनूय पुस्तकां रोमी लिपींत भुरग्यांखातीर आसात. पुस्तकांनी वेगवेगळ्यो काल्पनीक विशयाचेर आदारिल्ल्यो दरेकीं 16 कथा आसात.ह्या सुवाळ्याक गोंय राज्य भाजप अध्यक्ष दामू नायक, कुडतरीचे आमदार आलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स, गोंय तियात्र अकादेमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोजा आनी रायचे प्रतिश्ठीत नागरीक विलियम बार्रेटो हे मानाचे सोयरे आसतले. गोंय कोंकणी अकादेमीच्या सहकारान रायच्या स्नोज अकादेमीन ही कार्यावळ घडोवन हाडल्या. विन्सी क्वाद्रूस हे राष्ट्रीय कोंकणी लेखक आसून, तांकां केंद्र साहित्य अकादमीचो बाल साहित्य पुरस्कार फावो जाला. हाचे आदीं ताणें सुमार ६४ पुस्तकां उजवाडायल्यांत. ते देवनागरी आनी रोमी लिपीत बरोवपी साहित्यीक आसात.

---

भारतीय रिझर्व्ह बँकेच्या आर्थिक साक्षरता सप्तकात ' आर्थिक साक्षरता , बायलांची समृद्धी ' ह्या मध्यवर्ती संकल्पनेचेर आधारीत राज्यात साबार कार्यावळी आयोजित केल्ल्यो. २४ फेब्रुवारी सावन ह्या कार्यावळींची सुरवात जाल्ली. चडान चड बायलांक आर्थिक नदरेन साक्षर करप ह्या हेतान हें सप्तकभर जागृताय कार्यावळी जाल्यो. रीण घेवप , बरो क्रेडीट स्कोर राखप , दिसपट्ट्या खर्चाची आंखणी अशा साबार विषयांचेर चर्चासत्रां , उलोवपां वा हेर कार्यावळी जाल्यो. भौशिक बँको आनी हेर भाग धारकांच्या मजतीन देशभर आर्थिक जागरुकताय कार्यावळ राबयली अशें रिजर्व्ह बँकेच्या जाळवणदारांनी सांगले.

---

गोंय शालान्त मंडळाची धावेची परीक्षा आयज सावन सुरू जाली राज्यांतल्या ३२ केंद्रांचेर १८८७१ विद्यार्थी परीक्षेक बसतले. परीक्षा २१ मार्च २०२५ मेरेन चलतली. आज पयली भाषा विशयाचो पेपर जालो.अंदूं विद्यार्थ्यां परस विद्यार्थीनींचो आंकडो मात्सो चड आसा. ९२९७ विद्यार्थी, जाल्यार ९५७४ विद्यार्थीनी परीक्षेक बसल्य. १ मार्च ते १५ मार्च मेरेन परिक्षा चलतली

---

दाबोळेच्या अंतरराष्ट्रिय विमानतळ सल्लागार समितीच्या बसकेंत विमानसेवा वाढोवन कांय खाशेले बदल करपाचो निर्णय घेतला.ही बसका शुक्रारा सल्लागार समितीचे मुखेली तशेंच दक्षिण गोंयचे खासदार कॅप्टन विरियातो फर्नांडिस हांच्या फुडारपणाखाला जाली. बसके उपरान्त उलयताना खासदार फर्नांडिस हाणें म्हळा, की दाबोळेच्या विमानतळाची वळख पयली असली तशीच हाचे फुडेय जागतिक मळार वाडोवपाच्या नदरेन चर्चा जाली. तेच बरोबर विमानतळाचेर प्रवाशांक बरी सेवा दिवपाचोय विचार बसकेंत जाला. ते भायर दाबोळेची विमानां कांय कारणाक लागून हेर कडे वचपाक लागल्या. ताचेरूय अभ्यास चालू आसा म्हणपाची म्हायती खासदार कॅप्टन विरियातो फर्नाडीस हाणें दिल्या. दाबोळे विमानतळ प्राधिकरणाचे चेअरमन जॉर्ज वर्गिस तशेंच हेर वांगडी ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले.

---